## मुखेलमंत्र्यान नातालांचीं परबीं भेटयलीं

पणजीः 23 डिसेंबर 2023

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत गोंयच्या लोकांक खास करून क्रिस्तांव भावांक आनंदी आनी खुशालभरीत नातालांच्या निमतान मनांकाळजांतल्यान उर्बेभरीत परबीं भेटयता.

मुखेलमंत्र्यान आपल्या संदेशांत म्हणलें कीं, "नाताल हो संवसारभर व्हडा दबाज्यान आनी उमेदीन मनोवपाचो एक आनंदाचो सण जावन आसा. हो जेजू क्रिश्ताचो जल्म दीस म्हूण मनयतात आनी शांती आनी एकचाराची भावना परतून जागृत करतात. त्याग, मोग, सहनशक्ती अशे मोलादीक संदेश पावोवपी आनी सादेपण आनी दया ह्या उदात्त गुणांचो प्रसार करपी प्रभू येशूची ह्या वेळार याद करतात".

आमच्या गोंयांत भोव-धर्मीक आनी सांस्कृतीक समाजाचे लोक आसून लेगीत सगळ्यांनी इश्टागतीन आनी एकचारान रावपाची परंपरा आसा. नातालाचो सण भावपणाचें बंधन मजबूत करता, जे आमकां समाजीक-अर्थीक प्रगती खातीर मजत करता. एकामेकांक परबीं दितना समृद्ध गोंय घडोवपाचे दिकेन वाटचाल करुया, अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणलें.

मुखेलमंत्र्यान परबीं दितना फुडें म्हणलें की, "आमी हो पवित्र सण मनयतना दरेका कडेन हात फुडें करून प्रभू क्रिश्ताच्या शांतिकायेच्या शाश्वत संदेशाचें अनुकरण करपाक जाय. नातालाचो खरो अर्थ गरजू लोकांक मजत करप आनी निराश आशिल्ल्यांक उमेद हाडप आनी राज्यांत एकठांय रावपी सगळ्या समुदायां मदीं मनीसपणाचें समर्पण करप आसा. "

नातालाच्या आगमनान सगळ्यांक बरी भलायकी, उदरगत आनी सांप्रदायीक सलोखा पसरूंक दी तशेंच भावपणाचे संबंद घटमूट करून राज्याच्या व्हड वैभवा खातीर वावर करपाक आमी स्वताक परतून समर्पीत करुया. हो सण प्रत्येकाच्या जिणेंत भरपूर आनंद घेवन येवूं अशें निमाणें मुखेलमंत्र्यान म्हणलें.

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.